20th July 2025

सकाळी – 8.40

राष्ट्रीय खबरो

<u>मुखेल खबरो</u>

- फाल्यां सुरू जावपी संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या फाटभुयेर, सरकारान आयज सर्वपक्षीय बसका आपयल्या.

- युवा आध्यात्मिक शिखर संमेलन हे, धुंवळी वखदां मुक्त भारताच्या दिकेन एक व्हड पावल आसा, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां.

- ऑस्ट्रेलियेत जाल्ल्या 66व्या आंतरराष्ट्रीय गणित ऑलिंपियाड 2025 सर्तींत, भारतान तीन भांगरा, दोन रुप्या आनी एक कांस्य पदक मेळयला.

- संवसारीक पांवड्यार आयज, आंतरराष्ट्रीय बुध्दिबळ दीस मनयतात.

- भारतीय  हवामान खात्यान आयज केरळ आनी कर्नाटकांत उटागराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला.

<u>पावसाळी अधिवेशन –</u>

फाल्यां सुरू जावपी संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या फाटभुयेर, सरकारान आयज सर्वपक्षीय बसका आपयल्या. हे बसके वेळार संसदेच्या दोनूय सभाघरांचें काम सुचारूपणान चलचें, हे खातीर सरकार सगल्या राजकी पक्षांकडल्यान सहकार्य मागतलें. संसदेंत उबारपाचे म्हत्वाचे प्रस्नांचेर चर्चा करपाक सरकार तयार आसा, अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना सांगलें. ते भायर जन विश्वास (तरतुदी दुरुस्ती) विधेयक 2025, राष्ट्रीय खेळां शासन विधेयक 2025 आनी वेपारी जहाज येरादारी विधेयक, 2024 सयत म्हत्वाचे कायदे, चर्चा आनी संमत करपा खातीर येवपाची आस्त आसा, अशेंय मंत्री रिजिजू हाणी सांगलें.

## मोदी ड्रग्स इंडिया -

युवा आध्यात्मिक शिखर संमेलन हे, घुंवळी वखदां मुक्त भारताच्या दिकेन एक व्हड पावल आसा, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां. प्रधानमंत्र्यांनी हांचेर भर दिवपी लेख शेअर केला. केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांच्या पोस्टाक जाप दितना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि युवा आध्यात्मिक शिखर परिषद ड्रग्स मुक्त भारत उबारपाचें दिकेनं, व्हड पावल कशें थारता, हेविशीं मंत्री मांडवीय हाणी विस्तारान सांगला. काल सुरू जाल्ली ही 2 दिसांची शिखर परिशद, नशा मुक्त भारत अभियानखाला, मोदी सरकाराची व्यापक मोहिम आसा.

## गणित ऑलिंपियाड

ऑस्ट्रेलियेत जाल्ल्या 66व्या आंतरराष्ट्रीय गणित ऑलिंपियाड 2025 सर्तींत, भारतान तीन भांगरा, दोन रुप्या आनी एक कांस्य पदक मेळयला. दिल्लींतल्यान कनव तलवार आनी अरव गुप्ता, आनी महाराष्ट्रांतल्यान आदित्य मंगुडी हांणी भांगरा पदकां मेळयल्या. कर्नाटकांतल्यान आबेल जॉर्ज मॅथ्यू आनी दिल्लीच्या आदिश जैन हांणी रुप्या पदकां मेळयल्यात, जाल्यार दिल्लीच्या अर्चित मानसान कांस्य पदकां मेळयल्यात.  2024 वर्सा भारतान, चार भांगरा पदका जिखून इतिहास निर्माण केल्लो. अंदूं संवसारीक पांवड्यार भारत 7वे सुवातेर आसा. भरतं 252 गूणांतल्यान, 193 इतले विक्रमी गूण मेळयल्यात.

## बुध्दिबळ दीस -

संवसारीक पांवड्यार आयज, आंतरराष्ट्रीय बुध्दिबळ दीस मनयतात. हो दिस १९२४ वर्सा फिडेची स्थापणूक जाल्ल्याचो उगडास करता. ह्या वर्सा फिडेन "सामाजिक बुध्दिबळाचें वर्स" सुरू केलें, हो खेळ समावेश, शिक्षण, सशक्तीकरणखातीर साधन म्हणून वापरपाक समर्पीत आसा. आंतरराष्ट्रीय बुध्दिबळ दिसा 2025 चो विशय “Every Move Counts” हो आसा. विश्वनाथन आनंद ते नव्या पिळगें मेरेन, भारतीयांनी बुध्दिबळाक संवसारीक पांवड्यार पावायला.

उपराष्ट्रपती धनखर -

आपले वेव्हार कशे हाताळचे हें भारताक सांगपी सत्ता, ह्या ग्रहाचेर ना, अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी सांगलां. एन्क्लेव्हांत भारतीय संरक्षण इस्टेट्स सेवा 2024 बॅचाच्या, अधिकारी प्रशिक्षीतांक मार्गदर्शन करतना, उपराष्ट्रपती धनखर हाणी सांगलें, की ह्या सार्वभौम राष्ट्रांतले सगळे निर्णय देशाचे फुडारी घेतात. भारताचो लोकसंख्याशास्त्रीय लाभांश, जंय 65 टक्के लोकसंख्या ही 35 वर्सां सकयल आसा, हो संवसारीक मत्सराचो स्त्रोत आसा, हे उपराष्ट्रपतीनी नदरेक हाडलें.

Mandviya

केंद्रीय युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्री मनसुख मांडविया हाणी, २०४७ मेरेन विकसित राष्ट्र जावपाचे, भारताचे ध्येय साध्य करपाक, घुंवळी वखदां मुक्त तरणाट्यांचे महत्त्व अधोरेखित केले.

वाराणसीत 'युवा आध्यात्मिक शिखर परिषदे'च्या उक्तावण सत्रात मंत्री मांडविया उलयताले. ताणी नागरिकांक राष्ट्र उभारणीक प्राधान्य दिवपाचे आणि घुंवळी वखदां मुक्त भारत मोहिमेत, सामील जावपाचे आवाहन केले. दरेका नागरिकाक किमान पाच तरणाट्यांक, या उपक्रमाकडेन जोडपाचे वचन दिवपाचे आवाहन तांणी केले.

मध्यप्रदेश मुखेलमंत्री –

मध्य प्रदेशाचे मुखेलमंत्री मोहन यादव हांची दुबय आनी स्पेनांतली सात दिसांची आंतरराष्ट्रीय भोंवडी, काल सोंपली. ही भेट मध्यप्रदेश संवसारीक संवाद 2025साचो एक भाग आशिल्ली. ह्या भेटीच्या निमाण्या पांवड्यार मुखेलमंत्र्यांनी स्पेनांतल्या बार्सिलोना शारांतल्या उद्देजक, गुंतवणूकदार, आनी वेवसायीक हांचेकडेन चर्चा केली. तशेंच ताणी मर्क-बार्ना सारकिल्या जागतीक शेतकी मॉडेलांचें निरिक्षण केलें, आनी भारतीय प्रवासी लोकांची भेट घेतली. संवसारीक मळार विकसीत मध्यप्रदेशाची मोख घटमूट करपाचो, हे भेटीचो हेत आशिल्लो.

पाकिस्तान -

पाकिस्तानांत बलूच याक-जेहती समितीन, राजधानी इस्लामाबाद शारांत सरकारा आड केल्लो धरणा निशेध, आयज पांचव्या दिसार पावला. बलूचिस्तानांतल्यान बळजबरीन बेपत्ता केल्ल्या व्यक्तींचे कुटुंब आनी बीवायसी फुडारी, ह्या निशेधाचें फुडारपण करतात. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, बलोच याक्जेहती समितीन सांगलां की, आपल्या फुडाऱ्यांचो निशेध आनी तांका बेकायदेशीर ताब्यांत घेवपाविशी चालू आशिल्ले निर्बंध, बलूच आवाजांक ओगी करपाचे यत्न, स्पष्ट करता.

श्रीपाद नायक

केंद्रिय अक्षय उर्जा राज्य मंत्री तशेंच उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक हांणी खासदार निधीतल्यान काल, 3 दिव्याग व्यक्तींक तीन चाकी मोटरसायकली दिल्यो. तशेंच साखळे आमोणेच्या विठ्ठल रखुमाई मंदिराक स्पीकर सेट दिल्या. खासदार निधीतल्यान आजवेर 12 दिव्यांग व्यक्तींक अशा पध्दतीच्यो तीन चाकी मोटरसायकली दिल्यात. हे शिवाय सोलर स्ट्रीट लायट, तीन शाळांक बसी, कांय पंचायतीनी कोयरा एकठाय करपाक गाडी दिवची अशी मागणी केल्या. ही मागणी विचाराधीन आसा. तशेच खासदार निधीतल्यान शाळांक झेरोक्स मशिन दिल्या. तेचबरोबर मसण भुंय, कम्युनिटी हॉल, बांधपाचे काम सुरु जाला. आपल्या ह्या कारकीर्दींत कमीत कमी 50 तरी कामा, खासदार निदीतल्यान करपाची मोख आपणे दवरला, अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्री श्रीपाद नायक हांणी दिल्या.

पावसाळी अधिवेशन विरोधी पक्ष -

संसदेच्या पावसाळी अधिवेशनाच्या आदीं, विरोधी पक्ष इंडियन नॅशनल डेव्हलपमेंटल इन्क्लूसिव्ह आलायन्साच्या फुडाऱ्यांची, काल व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवीं बसका घेवन, तांची रणनिती थारायली. हे बसकेंत काँग्रेस, टीएमसी, समाजवादी पार्टी, शिवसेना (यूबीटी), डीएमके, CPI (M), NCP-SCP सयत हेर पक्ष हाजीर आशिल्ले. हे बसकेंत काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे, लोकसभेंतचे विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी, SP फुडारी रामगोपाल यादव आनी डीएमकेचे तिरुची शिवा हांचो आस्पाव आशिल्लो.

## कुस्तीं -

बायला कुस्तींत हंगेरींतल्या बुडापेस्टांत चालू आशिल्ल्या, पोल्याक इमरे वर्गा जानोस मेमोरियल सर्तीच्या चवथ्या मालिकेंत, भारतीय बायलां पंगडानी काल रुप्या आनी कांस्य पदक जिकंले.  प्रिया मलिकान श्यात्तर किल वजन गटात अपवादात्मक कुशळटाय दाखयली आनी रुप्या पदक जिखले. आशियाई वस्तादपण सर्तींत  मनीशान कांस्य पदक जोडलें. तीन भांगरा पदकां, दोन रुप्या आनी तीन कांस्य पदकासंयत भारताची एकूण आठ पदकां जाल्यात.

## Cricket -

भारत चॅम्पियन्स आनी पाकिस्तान चॅम्पियन्स हांचे मदीं जाल्ली क्रिकेट मॅच वर्ल्ड चॅम्पियनशिप ऑफ लेजेंड्स (डब्ल्यूसीएल) 2025 वर्सा बंद केल्या.शिमेभायर आशिल्ल्या आतंकवादाक लागून पाकिस्ताना कडेन भारताच्या तणावांत आयोजकांक व्हड खार प्रतिक्रिया  जाल्ल्यान ही मॅच रद्द जाली. डब्ल्यूसीएल लीगान भौशीक निवेदनांत प्रेक्षकां कडल्यान तांच्या भावनांक दुखापत केल्ल्या खातीर आनी इंडियन क्रिकेट लेजेंड्स कडेन जाल्ल्या अस्वस्थताये खातीर माफी मागली.

## हवामान

भारतीय  हवामान खात्यान आयज केरळ आनी कर्नाटकांत उटागराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण, फुडल्या 6 दिसांत केरळ, कर्नाटक आनी तमिळनाडूत उटानगराच्या पावसाची परिस्तिथी चालू उरतली. फुडल्या 3 दिसांत ओडिशा, छत्तीसगढ़, हिमालय, अस्तंत बंगाल, आसाम, त्रिपुरा, अरुणाचल प्रदेश आनी सिक्किम हांगा व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. तशेंच ह्या म्हयन्याचे 24 तारखे मेरेन जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडात अशीच परिस्थिती आसतली. आयज दिल्ली-एनसीआरत हलको पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.